12th August 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, युक्रेनाचे राष्ट्रपती व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन, फोनावेल्यान संवाद सादलो. युक्रेन - रशिया संघर्श बेगीन आनी शांततायेन सोडोवपाक भारत कटिबद्ध आसा, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

- पाकिस्तानी लश्कर मुखेलीच्या, अणुकेंद्रीय धोक्याविशीच्या संभाव्य वक्तव्यांचेर, भारतान खर निशेध केला.

- बॉक्सिंगांत आशियाई 19 आनी 22 वारसा सकयल्या, बॉक्सिंग वस्तादपण सर्तींत, भारतान ४ भांगरा पदका संयत, एकूण 27 पदकां जोडली.

- भारतीय हवामान खात्यान, फुडल्या 7 दिसांत उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशात, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

आता पुराय खबरो

पीएम झेलेन्सकीय -

युक्रेन - रशिया संघर्श बेगीन आनी शांततायेन सोडोवपाक भारत कटिबद्ध आसा आनी हे संबंदी भारत शक्य तितले योगदान दितलो, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. युक्रेनाचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन फोना वेल्यान संवाद सादतना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी हो संघर्श बेगीन आनी शांततायेन सोडोवपाची गरज आसा आनी हाचेर भारताची सेगीतपणान भुमिका आसा, अशें सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि भारत हे संदर्भांत शक्य तितलें योगदान दिवपाक, तशेंच युक्रेना कडेन द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाक कटिबद्ध आसा. प्रधानमंत्री मोदी हांणी हालींच्या घडामोडीं विशीं, झेलेन्स्की हांचे विचार आयकून घेतले.

पाकिस्तान - 50

पाकिस्तानी लश्कर मुखेली असीम मुनीर हाच्या, अणुकेंद्रीय धोक्याचा संभाव्य वक्तव्यांचेर, भारतान खर निशेध केला. विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी एका निवेदनांत, भारत खंयच्याच अणुकेंद्रीय धोक्याक बळी पडचो ना, अशें स्पश्ट सांगलां. नवी दिल्ली आपली राश्ट्रीय सुरक्षा राखपा खातीर, गरजेचीं सगळीं पावलां उबारतली, अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

पीएम - 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नवी दिल्लीत, बाबा खरक सिंग मार्गार, संसद सदस्यांखातीर १८४ नव्यान बांधील्या टाईप-सेव्हन बहुमजली सदनिकांचे, उक्तावण केले. या वेळार उलयताना मोदी हाणी म्हणले, की २१व्या शतकातलो भारत, विकासाखातीर उत्सुक आसा, कारण तो ताच्या जबाबदारीबद्दल संवेदनशील आसा. प्रधानमंत्री मोदीं हाणी अधोरेखित केले, की या बहुमजली इमारतीत १८० परसचड संसद सदस्य, एकठाय रावपाक शकतले. या नव्या निवासस्थानांचो एक महत्त्वाचो आर्थिक पैलू लेगीत आसा, अशे तांणी म्हळें.

(Byte - PM Flat )

शाह ALL INDIA SPEAKERS CONFERENCE -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, ह्या म्हयन्याच्या 24 तारखेक राष्ट्रीय राजधानींत दिल्ली विधानसभेंत, दोन दिसांच्या ALL INDIA SPEAKERS परिशदेचें उक्तावण करतले. देशांतलो पयलो वेंचून आयिल्लो सभापती म्हूण, विठ्ठलभाई पटेल हांणी केंद्रीय विधानसभेचें अध्यक्षपद हातात घेवपाच्या शती वर्साच्या उगडासाक लागून, ही परिशद घडोवन हाडल्या. विठ्ठलभाई पटेल हांच्या जिविताचेर, संसदीय योगदानाचेर आनी स्वातंत्र्य संघर्शांतल्या भुमिकेचेर आदारीत प्रदर्शन, खाशेलो म्हायतीपट आनी यादस्तीक टपाल तिकिट सुरू करतले, अशी म्हायती दिल्ली

विधानसभा अध्यक्ष विजेंद्र गुप्ता हाणी दिली. परिशदेच्या निमाण्या सत्राचे अध्यक्षपद, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला समाळतले, अशेंय तांणी सांगलें.

Parliament - 200

वेगवेगळ्या मुद्द्यां वेल्यान विरोधी पक्षांच्या गोंधळाक लागुन संसदेचे दोनुय सभाघरा काल दनपार २:०० मेरेन तहकूब केल्ली. राज्यसभेचे कामकाज सकाळी ११क सुरू जाले, तेन्ना उपसभापती हरिवंश हाणी शून्य वर सुरू करपाचो यत्न केलो. विरोधी सदस्यांनी बिहारातल्या मतदार वळेरीच्या, विशेष सघन सुधारणा आणि हेर बाबींचो मुददो उपस्थित केलो. तांणी सांगले, की तांका पाच वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर राजकीय पक्षांकडच्यान, २९ सूचना मेळल्यात, तातूंतले १८ न्यायालयीन प्रकरणांकडे संबंधित आसात. तांणी निषेध करपी सदस्यांक, आपापल्या सुवातांचेर परत वचपाचे आणि सभागृहाचे कामकाज सुरू दवरपाचे आवाहन केले. राज्यसभेत सेगीत व्यत्यय येत राविल्ल्यान, ६२ वरापरस चड वेळ वाया गेला, अशेय हरिवंश हांणी म्हणले. आनी प्रश्नोत्तर आणि शून्य वर हे सदस्यांखातीर आसात, अशे सांगुन आणि निषेध करपी सदस्यांक, कामकाजात आडमेळी हाडची न्हय, अशे आवाहन केले. गोंधळ सुरू उरिल्यान उपसभापतींनी उपरांत कामकाज दनपार २ मेरेन, तहकूब केले.

लोकसभेतय अशेच दृश्य पळोवंक मेळले. सकाळी ११क कामकाज सुरू जाले, तेन्ना विरोधी पक्षांनी विशेष सघन सुधारणांच्या मुद्यार चर्चा जावची, अशी मागणी करत, निदर्शना सुरू केली. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हणले की, निदर्शक सदस्य, पूर्वनियोजित पद्धतीन सभाघरात आडमेळी हाडतात, जे लोकशाही खातीर योग्य ना. सेगीतआवाहन करून लेगीत, विरोधी सदस्यांनी तांचो निषेध सुरू दवरले उपरांत, सभापतींनी दनपरा २ मेरेन कामकाज, तहकूब केले.

श्रीपाद नायक - 100

उत्तर गोंय लोकसभा मतदारसंघांतल्या पोरन्या गोंयच्या इला निवासी वाठारांत, नव्यान बांदिल्ल्या बाल उद्यानाचें काल केंद्रीय नव आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी उक्तावण केलें. ह्यावेळार पोरन्या गोंय पंचायत सरपंच मेधा पर्वतकार, जिला परिषद वांगडी सिध्देश नाईक, भौशीक बांदकाम खात्याचे अभियंते आनी थळावे लोक, व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. ह्या संदर्भात उलयतना मंत्री नाईक हांणी सांगलें, कि राजकारण लोकांचे सेवेखातीर आसूंक जाय, अशें उदात्त धोरण घेवन आपल्या खासदार निधींतल्यान, लोकांक समाजीक उपेगी पडपी उदरगत प्रकल्प, आपल्या मतदारसंघांत चालीक लायतात. खासदार निधींतल्यान भौशीक कल्याणाचे काम जावचे हे खातीर यत्न करपाक जाय, अशेय मंत्री नाईक हांणी सांगलें.

भूपेंद्र यादव - 50

पर्यावरण, वन आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी सांगले की, सरकार देशभरातल्या रानजीव अधिवासांचे संरक्षण, संवर्धन आणि व्यवस्थापन करपाक, एकात्मिक वन्यजीव अधिवास विकास योजना राबयता. ताणी म्हणले, की २४ प्रजाती धोक्याच्या वळेरीत आसपावित केल्यात आणि सरकार तांच्या जतन आणि संवर्धना खातीर काम करता.

ऑलिंपियाड -

खगोलशास्त्र आनी खगोल भौतिकीचेर, 18व्या आंतरराष्ट्रीय ऑलिंपियाडाचें औपचारीक उक्तावण आयज मुंबयंत जातलें. ह्या कार्यावळीक, मुखेल शास्त्रीय सल्लागार prof dr अजय कुमार सूद, अणुऊर्जा खात्याचे सचीव dr अजय कुमार मोहंती, आंतरराष्ट्रीय खगोलीय संघटनेचे आदले उपाध्यक्ष prof अजीत केम्भवी आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले. काल पत्रकार परिशदेंत उलयतना ,ही कार्यावळ आयोजीत करपी होमी भाभा सेंटर फॉर सायन्स एज्युकेशनाचे संचालक

prof अर्णब भट्टाचार्य हांणी सांगलें, कि ही सर्त आतां मेरेनची सगळ्यांत भव्य आसतली, जातूंत 64 देशांतले वट्ट 288 विद्यार्थी वांटो घेतले.

हर घर तिरंगा -

भारताच्या स्वातंत्र्य संघर्शाचो उगडास करपाक, आनी नागरिकांक एकठांय हाडपा खातीर, 'हर घर तिरंगा' आनी 'तिरंगा यात्रा' मनोवपाची येवजण, तेलंगणा भाजपा राज्य युनिटान जाहीर केल्या. भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष एन रामचंद्र राव हांणी सांगलें कि, हैदराबाद आनी राज्यभरांतल्या कार्यावळींखातीर पक्ष तयारी करता. दरेका घरांत 15 ऑगस्ट मेरेन, तिरंगो उबारपाक प्रोत्साहन दिता. तिरंगा यात्रा आनी हर घर तिरंगा मोहिमेत वांटो घेवपाचें आवाहन, तांणी लोकांक केलें.

बॉक्सिंग - 80

बॉक्सिंगांत आशियाई 19 आनी  22 वारसा सकयल्या, बॉक्सिंग वस्तादपण सर्तींत, काल बायलांच्या 80 किलो विभागांत, रितिकान भांगरा पदक जिखलें. बँकॉकांत जाल्ले हे सर्तींत, भारताच्या पंगडांक दोनूय पिरायेच्या गटांतल्यान वट्ट 27 पदकां मेळ्ळीं. १९ वारसा सकायल्ल्या पंगडान, बळिश्ट कामगिरी करून दुसरो क्रमांक मेळयलो आनी तातूंत 3 भांगरा, 7 रुप्या, आनी 4 कांस्य पदकां सयत 14 पदकां मेळ्ळीं. जाल्यार, 22 वारसा सकयल्या पंगडान, 13 पदकां मेळयलीं. तातूंत 1 भांगरा, 4 रुप्या, आनी 8 कांस्य पदकांचो आस्पाव आसा.

वल्ड गेम्स -

चीनांतल्या वुशूंत चेंगडू शारांत जावपी, संवसारीक खेळ 2025 सर्तींत आयज सांजे बायलांच्या 52 किलो वजनाच्या अखेरेत भारताची नम्रता बत्रा आनी चीनाची मेंग्यू चेन, हांचे मदि खेळ जावपाचो  आसा. हि मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 5:30 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. काल फिलीपीन्साच्या क्रिझान फेथ

कोलाडो हांचेर 2 आड 0 अशी मात करून, नम्रतान फायनलींत पावून इतिहास घडयलो. तशेंच तिणें रुप्या पदक मेळयलें आनी भारताक, पयलेच खेपे संवसारीक खेळां पदक मेळपाची हमी मेळ्ळी. सर्तीचे आदीं ऋषभ यादवान दादल्यांच्या कंपाउंड धनुर्विद्या सर्तींत, कांस्य पदक मेळोवन भारताचें पयलें वैयक्तीक पदक जोडलें.

हवामान - 90

भारतिय हवामान खात्यान, फुडल्या 7 दिसांत उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशात उटतगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, आयतारा मेरेन हिमालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात घोग्यानी पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशावांगडाच, ह्या राज्यांनी रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच बिहारात एकसुरे सुवातींनी खूब व्हड प्रमाणात पावस पडटलो, असो अदमास उक्तायला. आयज बिहार, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, झारखंड आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत, एकसुरे सुवातेर वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड मारपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांत आयज पावस लागला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, युक्रेनाचे राष्ट्रपती व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन, फोनावेल्यान संवाद सादलो. युक्रेन - रशिया संघर्श बेगीन आनी शांततायेन सोडोवपाक भारत कटिबद्ध आसा, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

- पाकिस्तानी लश्कर मुखेलीच्या, अणुकेंद्रीय धोक्याविशीच्या संभाव्य वक्तव्यांचेर, भारतान खर निशेध केला.

- बॉक्सिंगांत आशियाई 19 आनी 22 वारसा सकयल्या, बॉक्सिंग वस्तादपण सर्तींत, भारतान ४ भांगरा पदका संयत, एकूण 27 पदकां जोडली.

- भारतीय हवामान खात्यान, फुडल्या 7 दिसांत उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशात, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.  नमस्कार